# <u>राजपथार प्रजासत्ताक दीस संचलनात गोंयच्या चित्ररथाचे सादरीकरण</u>

ता. 26 जानेवारी 2022

नवी दिल्लीत राजपथार प्रजासत्ताक दीस संचलनाच्या सांस्कृतीक मिरवणूकीत गोंयच्या चित्ररथाचे सादरीकरण जाले. गोंयच्या चित्ररथा वरवीं राज्याचो सांस्कृतीक वारसो, आग्वाद किल्लो, आझाद मैदानावयले हुतात्मा स्मारक, दोनापावला, इफ्फी, शिगमोत्सव आनी कुणबी लोकनाचाचे दर्शन घडयतले.

वारखंड फोंडेचे श्री. सुशांत खेडेकर हांच्या संकल्पनेतल्यान तयार केल्ल्या गोंयच्या चित्ररथावरवीं धोल-ताशांच्या संगीत वाद्यांच्या तालाचेर राजपथार गोंयच्या संस्कृतीचे प्रदर्शन घडयले. गोंयच्या चित्ररथाक प्रेक्षकांनी टाळयांनी येवकार दिलो.

गोंयासयत अरूणाचल प्रदेश, हरयाणा, छत्तीसगड, गुजरात, जम्मू-काश्मीर, कर्नाटक, महाराष्ट्र, मेघालय, पंजाब, उत्तर प्रदेश, उत्तराखंड ह्या राज्यांनी आपले चित्ररथ संचलनात सादर केले.

गोंय सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन गोंयच्या चित्ररथाचे प्रदर्शन जाले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/76

-

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji